30th April 2026 7.25am

सीएम दिल्ली -

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हे बुदवारा राती अचकीत दिल्ली गेल्यात. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा, सरचिटणीस बी. एल. संतोष आनी राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांचे कडेन म्हत्वाच्या विशयांचेर चर्चा जातली. आगामी विधानसभा वेंचणुकेविशी चर्चा करपा खातीर, दिल्ली आयल्यात, अशी म्हायती प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी दिल्या.

आयुश मंंत्री गोवा

नव्यानूच स्थापन जाल्या आयुश खात्याचे मंंत्रिपद, भलायकी मंंत्री विश्वजीत राणे हांंकाच दिला. विश्वजित राणे हांंचे कडेन आता भलायकी, शार उदरगत, राना, एफ.डी.ए सयत आयुश खात्याची भर पडल्या. मुखेलमंंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे जल्मदिसा आयुश खाते स्थापन जाल्ले. खात्याच्या संचालकपदाचो ताबो डॉ. पूजा मडकयकार हांंचे कडेन दिला. तशेच भलायकी खात्याच्यो जोड सचीव तृप्ती मणेरीकार हांंची, आयुश खात्याच्या जोड सचीव पदाचेर बदली जाल्या. गोंय सरकारान कामकाज नेम 1987 मदी दुरूस्ती करून, नवे 58वे खाते तयार केलां. ह्या खात्या खातीर संंचालक तशेच जोड सचीवांची नेमणूक जाले उपरान, हेर कर्मचाऱ्यांंची लेगीत नेमणूक जातली.

Job Fair Rashmi

गोंय मनीसबळ उदरगत म्हामंडळाच्या जोडपालवान आयोजीत केल्ल्या, वेर्णा उद्देगीक इस्टेटांत जाल्ल्या, मेगा नोकरी मेळाव्यांत 25 कंपनींनी वांटो घेतिल्लो. ह्या कॅम्पावरवी सुमार 1 हजार 300 रोजगार दिला, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. मुखेलमंत्री डॉटर प्रमोद सावंत Goa Occupational Safety and Health Expo & Summit 2026च्या उक्तावण सुवाळ्यावेळार उलयताले. ह्यावेळार गोंय काराखाने आनी बाश्पक खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार , तशेंच गोवा चेम्बर ऑफ कोमर्स अण्ड इंडस्टीची अध्याक्षा प्रतिमा धोंड, आनी महाराश्ट्र सरकाराचे मंत्री आकाश फुंडकर हाजीर आशिल्ले.

Panchayat Rashmi

दरेका पंचायतींतल्यान सॅनिटरी पॅड, 'diapers', सारको कोयर, दर दोन दिसांनी एकठांय करपाचे काम सुरु जातले. तशेचं चिकन आनी मटनाचो कोयर, पोल्ट्री असोसिएशन एकठांय करतले. कोयरा कर घेवपी पंचायतींक, कमी पडपी आर्थिक मजत सरकार दितलें, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. विकसित गोंय पंचायत संमेलनांन, पणजे कला अकादमीत आयोजित कार्यावळीत ते उलयताले. म्हजो गाव नितळ आसचो म्हण, दर एकल्यान जवाबदारीन वागचे, अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यांनी केला. मे महिन्यामेरेन दर पंचयातीक टेक्निकल असिटंन्ट दितले, अशी घोसणा पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी केली.

Rohan AI Rashmi

गोंवा एआय मसुदो धोरण 4 मे 2026 ह्या दिसा, लोकांच्या सुचोवणेखातीर भौशीक मळार उजवाडाक हाडटले, अशें म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खवंटे हांणी जाहीर केलां. हो मसुदो राज्य पोर्टल आनी आयटी खात्याच्या संकेतथळार, 15 दिसां खातीर उपलब्ध आसतलो. हे विशीं मंत्री खवंटे हाणी म्हायती दिल्या.

Kul Mundkar Jawdekar

कारापूर - सर्वणच्या ग्रामस्थांनी कूळ वा मुंडकार जागेविशी जी किदें कागदपत्रां आसा, ती तांणी मामलेदारांकडेन सादर करची. कागदपत्रांचेर आधारीत फावो तो हक्क मुंडकारांक मेळटलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. कारापूर - सर्वणच्या ग्रामस्थांनी आजून मेरेन कसलीच कागदपत्रां मामलेदारांकडेन सादर करूक ना. हाका लागून तांचे हक्काविशी, आजून मेरेन कसलोच निर्णय जावंक ना, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें. हे ग्रामस्थ फाटले कितलेशेच दीस, पंचायती मुखार धरणा आंदोलन करतात. पंचायत वाठारात घरनिर्माण प्रकल्पाक तांचो विरोध आसा. हो प्रकल्प रद्द करचो, अशी तांची मागणी आसा. आंदोलन करपी ग्रामस्थांनी मुखेलमंत्र्यां कडेन चर्चा केल्ली.

एक कळोवणी

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर इत्सुक उमेदवारांक, अर्ज करपाचो आयज निमणो दिस आसा.

Sports

आयपीएल क्रिकेटांत, काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत, सनरायझर्स हैदराबादान, मुंबय इंडियन्साक 6 विकेटींनी हारयलो. आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत, गुजरात टायटन्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू मदी सांजवेळा 7.30 वरांचेर खेळ जातलो.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 35 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 28.6 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार